# सशस्त्र सेना ध्वज दीस मनयलो

ता. 7 डिसेंबर 2018
16 मार्गशीर्ष 1940

सैनिक कल्याण संचालनालयान आयज राजभवनार वर्सूकी सशस्त्र सेना ध्वज दीस मनयलो. 1949 वर्सा सावन प्रत्येक वर्सा 7 डिसेंबराक सशस्त्र सेना ध्वज दीस मनयतात. हया दिसानिमतान भारतीय सैन्य दळांतल्या सैनिकांच्या कल्याणाखातीर भारतीय नागरीकांकडल्यान निधी एकटाय करतात.

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा, मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, डीजीपी डॉ. मुक्तेश चंदर, कमांडंट ब्रिगेडियर ए.के.शर्मा आनी सैनिक कल्याण खात्याचे सचिव मेजर वेणूगोपाल नायर हया वेळार हजर आशिल्ले.

मेजर वेणूगोपाल नायर हांणी राज्यात आदल्या सैनिकांखातीर सैनिक कल्याण खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी कल्याणकारी येवजणांची माहिती दितना बिगर सरकारी संघटना आनी सरकाराच्या सहकार्यान सैनिक कल्याण खात्यावतीन आधारहिन आदले सैनिक, विरनारी आनी विधवांखातीर वृध्दाश्रम बांदपाचे काम चालू आशिल्ल्याचे सांगले. आदल्या सैनिकांच्या कुटुंबियांच्यो अडचणी सोडोवपाक तशेंच तरणाटयांक सैन्य दळांनी भरती जावपाक प्रोत्साहन दिवपाता येता, अशेंय तांणी सांगले.

राज्यपालान राज्यात आदल्या सैनिकांच्या कल्याणाखातीर सैनिक कल्याण खात्यावतीन करपात येवपी कार्याची प्रशंसा करून आमका सैन्य दळांतल्या जवानांप्रती आदराची भावना आसपाक जाय जांका लागून आमी शांतीकायेन जीण जगतात. आमी आमच्या भुरग्यांमदी देशभक्तीची भावना रूजोवपाक जाय तेन्नाच आमचो भारत शक्तीशाली जातलो, अशें सांगले.

उपरांत राज्यपालाहस्तूकीं फाटल्या वर्सा सशस्त्र सेना ध्वज दिसा चड निधी एकटाय केल्ल्या सरकारी खात्याक पुरस्कार भेटयले. पयलो पुरस्कार अबकारी खाते, दुसरो शिक्षण खाते आनी तिसरो पुरस्कार पंचायत खात्याक भेटयलो.

सशस्त्र सेना ध्वज दीस कार्यक्रमाक आदले सैनिक, तांच्या कुटुंबातले वांगडी, वरिश्ट सरकारी अधिकारी आनी हेर उपस्थित आशिल्ले. श्रीमती उषा नेवरेकर हांणी निमणे उपस्थितांचे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1792